# गोंय विद्यापीठान एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 16 जानेवारी 2026

गोंय विद्यापीठान गोंय राज्य रिसर्च फांऊडेशन पुरस्कृत "Testing the Synergistic Effects of Carbon-derived materials and Ferrite Fillers in Polymer Composites for Broadband Microwave Attenuation" ह्या विशया वयल्या प्रकल्पाचेर गोंय विद्यापीठाच्या रसायनशास्त्र विभागात काम करपाक एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदांखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसा आनी म्हयन्याक एकत्रीत 20,000/- रूपया मानधन दितले. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सा परस चड आसची न्हय. उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत निरिंद्रीय/भौतिक/पृथक्करण रसायनशास्त्र विशयात मास्टर पदवी पात्रताय आसपाक जाय.

मुलाखत 21 जानेवारी 2026 दिसा दनपारां 3.00 वराचेर रसायनशास्त्र विभाग, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. उमेदवारांनी अर्जावांगडा आवश्यक दाखले, गुणपत्रिकेच्यो स्वता प्रमाणित केल्ल्यो प्रती सादर करच्यो आनी मुळ दाखले वांगडा घेवन येवचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/56

--
--------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.